## राज्य पांवड्याचेर 62 वो शिक्षक दीस मनयलो

## मुख्यमंत्र्यांच्या हस्तुकीं  मुख्यमंत्री वशिश्ठ गुरू पुरस्कार भेटयले

ता. 5 सप्टेंबर 2023

शिक्षण संचालनालयान आयज दोनापावला हांगा राजभवनाच्या दरबार हॉलात आयोजीत राज्य पांवड्यावयल्या सुवाळ्यात 62 वो शिक्षक दीस मनयलो. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी पारंपरीक दिवली पेटोवन आनी शिक्षणतज्ञ आनी देशाचे आदले राष्ट्रपती डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांच्या फोटवाक फुलाहार घालून सुवाळ्याचे उक्तावण केले. डॉ. सर्वपल्ली राधाकृष्णन हांच्या जल्म दिसाच्या निमतान शिक्षकाप्रती सन्मान उक्तावपाक प्रत्येक वर्सा 5 सप्टेंबराक शिक्षक दीस मनयतात.

सुवाळ्यात उलयताना मुख्यमंत्री डॉ. सावंत हांणी सरकार विद्यार्थी आनी शिक्षकांखातीर सर्वसमावेशक देखरेख प्रणालीसयत  विद्या समीक्षा केंद्र सुरू करतले, अशी म्हत्वाची घोशणा केली. येणाऱ्या काळात खंयच्याय शाळेत शिक्षकांची उणीव आसची ना, ह्या खातीर सरकारचे प्रयत्न आसा. आदर्श युवा पिळगी घडोवपाक आनी तांच्या यसस्वी कॅरिअराखातीर विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन करपात शिक्षकांची भूमिका म्हत्त्वाची आसा. पास आनी नापास अशा दोनीय विद्यार्थ्यांक कॅरिअराची संद उपलब्ध करून दिवपाक सरकारचे प्रयत्न आसात आनी त्या खातीर  सरकारान  राज्यातल्या सगळ्यां आयटीआय केंद्रांनी हॉस्पिटॅलिटी विशय सुरू केला, जेणे करून कुशळ मनीसबळाची गरज पुर्ण जावपाक मदत जातली, अशें तांणी सांगलें.

शिक्षण सचीव श्री. प्रसाद लोलयेकर हांणी आपल्या भाशणात राज्य शिक्षणीक संशोधन आनी प्रशिक्षण मंडळाच्यो सगळ्यो प्रयोगशाळा भारतीय विज्ञान संस्थेखाला स्थापन करपाची येवजण आशिल्ल्याचें सांगून गोंयच्या प्रत्येक विद्यार्थ्याक दर्जेदार शिक्षण दिवपाक सरकारचे प्राधान्य आशिल्ल्याचें तांणी म्हणलें.

ह्या वेळार  गोंय राज्य उच्च शिक्षण मंडळ, उच्च शिक्षण संचालनालय आनी सत्काम फाउंडेशन हांच्यामदी समजीकाय कबलात जाली. पूरक विशय, संकल्पना, अभ्यास  अशा गजालीचेर  लक्ष केंद्रित करून विद्यार्थ्यांचो शिकपाचो अणभव वाडोवप हो ह्या कबलातीचो उद्देश आसा.

सुवाळ्यात मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकीं राज्यांतल्या 8 उत्कृश्ट शिक्षकांक मुख्यमंत्री वशिश्ठ गुरू पुरस्कार भेटयले.  हर्षिता नाईक, सरकारी मुळावी शाळा, चोनसाय-पार्से, पेडणे, सोनिया माणगांवकर, ए. व्ही. लॉरेन्स सरकारी मुळावी शाळा, मडगांव, प्रेमानंद नाईक, नारायण झांट्ये माध्यमिक शाळा, दिवचल, आंतोनेत डिसोझा, अवर लेडी ऑफ रोझरी माध्यमिक शाळा, दोनापावला, उमेशा सावळ, सरकारी माध्यमिक शाळा,  फातर्पा, निता साळुंखे, एल. डी. सामंत मेमोरियल माध्यमिक विद्यालय, पर्वरी, सुचित्रा देसाय, पॉप्युलर माध्यमिक शाळा, कोंब-

मडगांव आनी दत्ता परब, श्री शांतादुर्गा उच्च माध्यमिक विद्यालय पिर्ण-बार्देस हांका मुख्यमंत्री वशिश्ठ गुरू पुरस्कार भेटयले.

तशेंच अदीक शिक्षण कल्याण निधी एकटाय केल्ल्या बार्देस, सत्तरी आनी दिवचल तालुका सहाय्यक जिल्हा शिक्षण अधिकारी कार्यालयाचो सन्मान केलो.

सुरवातीक शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे हांणी येवकाराचे उलवप केले, जाल्यार एससीईआरटी चे संचालक डॉ. शंभू घाडी हांणी निमाणे उपकार मानले. उपसंचालक श्रीमती सिंधू प्रभूदेसाय हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/698

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.